स्पन्दन

प्रकाशक : केरळ कोंकणी अकादमी, कोची.

Date of Publication : 10 November 2025

2025 नवंबर 22-23 दिसांनी एर्नाकुळम शारांत

26 वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य सम्मेळन



सम्मेळनाचे मानादिक अध्यक्ष
श्री. माधव बोरकार

स्वागत समितीचे अध्यक्ष
श्री. टी.आर. सदानंद भट



अ.भा.कों. परिशद कार्याध्यक्ष
श्री. चेतन आचार्य



स्वागत समितीचे कार्याध्यक्ष
श्री. आनंद जी. कामत

स्वागत समितीचे सरकार्यदर्शी
श्री.टी.एस. शरत कुमार

SPANDAN

Konkani Monthly Published by :

KERALA KONKANI ACADEMY (R)

18 / 535-A, GOKUL, Ayyappa Sevasangham Road,
PALLURUTHY, Kochi - 682 006

₹ 10

धा रुपया

Experiance Meatless, Mindful, Mouthwatering Veg. Food!

ATHARVA
Family Restaurant

PURE VEGETARIAN

Opp. Palace Jewellery, Place Road, Cochin - 682 002

SOUTH INDIAN | NORTH INDIAN | CHINEESE

✨ Savor Every Occasion with Taste & Tradition! ✨

ATHARVA
VEG CATERING SERVICES

Pure Taste, Purely Vegetarian!

Traditional & Contemporary Veg. Catering Services

Weddings | Engagements | Housewarming

Corporate Events | Birthday Parties etc.

✅ 100% Pure Vegetarian ✅ Hygienic & Homely Preparation
✅ Customizable Menus ✅ Live Counters & Buffet Setup Available

For Details Contact

80891 21607

स्पन्दन

SPANDAN Konkani Monthly
Published by **KERALA KONKANI ACADEMY** (R)
18/535 A, GOKUL
Ayyappa Sevasangham Road,
PALLURUTHY, Kochi - 682 006
Editor: spandankochi@gmail.com

खंड 14 अंक 11 नवंबर 2025

स्पन्दन कोंकणी मासिक
प्रकाशक
केरळ कोंकणी अकादमी
कोची – 682 002

संपादक
शरतचंद्र शेणै

अध्यक्ष
पी.एन. कृष्णन
फोनः 9745472744

सरकार्यदर्शी
के. विश्वनाथन
फोनः 9946881486

कोशाधिकारी
प्रोफ. जी. मोहन रावु
फोनः 9446369771

प्रचार प्रसार
टी.आर. सदानंद भट
फोनः 6238795681

वांगडी
के. विजयन
फोनः 9496719324

*

प्रति : ₹ 10/-
वार्षिक : ₹ 150/-

संपादकीय

नमस्कार. सुमार वर्षांचे उपरांतें 'स्पन्दन' मासिक परतून उजवाडा हाडूक आमकां संतोष आसा. आतां मुकारि अखिल भारतीय कोंकणी परिषदेचे आभिमुख्यारि 2025 नवंबर 22 शनिवार आनी 23 आयतार दिसांनी एर्नाकुळमांतु 'अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य सम्मेळन' आयोजित केल्यां. बरोवप्यांक मात्र न्हय, सामान्य लोकांकय मेळचो हो एक अप्रूप एकमेळीचो संदर्भ. 'स्पन्दन' परतून उजवाडा हाडच्या ह्या वेळार आमी स्पन्दनाचे पूर्व संपादक स्वर्गीय सुरेश ए. शेणै हांचो उडगास घेताय आनी तांकां भावपूर्ण श्रद्धांजली अर्पण करताय. गेल्या कांय वर्षांनी केरळचे जे कोंकणी वावुरपी आनी बरोवपी निधन जाले ताकांय आमी श्रद्धांजली अर्पण करताय. आमचो पत्तो आनी संपर्काची माहिती वयर दिल्या. कोंकणी भास आनी साहित्या संबंदी खबरो संक्षिप्त रूपान आमकां पावोवंच्यो म्हूण विनंती करताय. स्पन्दना खातीर तुमचीं कोंकणी गीतां, कविता, लघुकथा, लघु लेखनां, विनोद, तुमचो अभिप्राय, प्रतिक्रिया, आदीय स्वागत करताय. सर्वय कोंकणी मोग्यांचो सहकार आनी सहयोग आसतलो म्हूण प्रतीक्षा करताय. धन्यवाद.

अध्यक्षालीं दोनि उतरां

नमस्कार. 2022 एप्रिल म्हयन्यांत 'स्पन्दन' मासिकेचे मुखेल संपादक श्री. सुरेश ए. शेणै निधन जाले. ताका लागून मासिका उजवाडा हाडून चलोवपाक कांय अडचणी आयल्यो. तशे तरेन कांय वर्षांक 'स्पन्दन' बंद पडलें. आतां त्यो अडचणी दूरा जाल्यो आनी एक योग्य संपादक मेळ्ळो म्हूण आमकां संतोष जाला. 'स्पन्दन' परतून चलोवपाक हो एक योग्य वेळ. कारण आतां अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य सम्मेळन आमगेल्या गांवांत घडून येता आसा. 'स्पन्दन' बंद पडलेल्या गेल्या कांय काळांत केरळांत घडून आयिल्ल्या कोंकणी कार्यक्रमाच्यो सुमार खबरो ह्या अंकांत आमी दिल्याय. वाचकांचो, बरोवप्यांचो, बरें मागप्यांचो, मार्गदर्शकांचो आनी जायरातदारांचो सहयोग आनी फाटीबळ सदांच आसुका म्हूण विनंती करताय. धन्यवाद.

पी.एन. कृष्णन

अध्यक्ष, केरळ कोंकणी अकादमी, कोची

भावपूर्ण श्रद्धांजली

सुरेश ए. शेणै (१९४७-२०२२) कोंकणी कथाकार आनी कार्यकर्ते. केरळ कोंकणी अकादमीचे सरकार्यदर्शी, उपाध्यक्ष आनी **'स्पन्दन' मासिकेचे मुखेल संपादक** आशिल्ले. १९९६ वर्षा कोचींत भरलेल्या अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य सम्मेळनाचे स्वागत समितीचे सरकार्यदर्शी आशिल्ले. केरळ कोंकणी अकादमीचो 'पंडरीनाथ भुवनेंद्र गद्य साहित्य पुरस्कार' आनी कोंकणी भाषा प्रचार सभेचो साहित्य पुरस्कार जैतवंते कथाकार. 'साहित्यरत्न' (२०००) नांवाचो साहित्य संग्रह हांणी संपादीत करून 'सरळ कोंकणी प्रकाशन' हे आपले संस्थे वतीन उजवाडायला. हांगेलो स्वताचो कथासंग्रह 'कालचक्र' २०१८ वर्षा कोंकणी केंद्र गोश्रीपूर हे संस्थेन प्रकाशित केलो.

के. अनन्त भट (१९३९-२०२४) 'रामचरितमानस' कोंकणींत भाषांतर केलेल्याक हांकां केंद्रीय साहित्य अकादमीचो २००६ वर्षाचो भाषांतर पुरस्कार प्राप्त जाला. तिनशां भायर कोंकणी गीत रचलेल्या हांचे खूब साहित्य गीतसंग्रह प्रकाशित जाल्याय. कोंकणींत अत्यप्रूप रूपाचें आत्मकथा काव्य हांणी रचल्यां आनी तें 'अनन्तु' ह्या नांवान प्रकाशित

जाल्यां. जायत्या गायकांनी हांचे गीत गायल्याय आनी आकाशवाणीच्या वेगवेगळ्या केंद्रांनी ते गीत प्रस्तुत जाल्याय. बिहार राज्याच्या विक्रमशिला विद्यापीठान हांकां 'विद्यावाचस्पती' पदवी दिवनु सन्मानीत केला. हांच्या निधनाक लागून अंतिम संस्कारा आदीं केरळ सरकारा तरपेन तांकां 'गार्ड ओफ होणर' दिलें.

वी. आनंद भट (१९५०-२०२३)

केरळांत आनी इतर संस्थानांतूंय विख्यात जालेल्या 'वैष्णवरत्न' मासिकेचे संस्थापक आनी संपादक. १९९९ धरून २०२३ वर्स पर्यंत जावन अडेच दशकाच्या काळाक हांणी आपल्या एकल्याच्या अखंड आत्मार्थ यत्नान तें मासिक चलयलें आनी प्रचार केलें. तांतूं अनेक कोंकणी गीत, कविता, कथा, लेखनां, प्रवासवर्णनां, शब्दावली आदी उजवाडा हाडून सगल्याय प्रायेच्या कोंकणी बरोवप्यांक प्रोत्साहन, प्रचोदन दिलें. कालाकालाक कोंकणी साहित्य मत्सरां घडोवन हाडलीं आनी चड चड लोकांक कोंकणी साहित्याकडेन आकर्षित केलीं. सगळे दिसाचे सांस्कृतिक कार्यक्रम घडोवन बरोवप्यांक, कलाकारांक, विद्यार्त्यांक आनी युवप्रतिभांक योग्य रूपान सन्मानीत केले. कोंकणी भास, साहित्य आनी समाज हांचे खातीर हांणी केलोलो वावर अतुल्य आनी अनन्य जावन आसा.

रंगा हरी (१९३०-२०२३)

गोंयच्या पूर्विल्ल्या इतिहासाच्या एक कालखंडाचेर खूब उजवाड घालपी अशें एक महत्वाचें पुस्तक हांणी मलयाळम भाशेन बरयलें – 'गोवयिले मतम माट्टम, कथयुम व्यथयुम'. हें पुस्तक मागीर तामिळ, इंग्लीष, कोंकणी, मराठी आदी भाशांनीं अणकारून आयलां. हांणी कोंकणींतय एक अप्रूप खंडकाव्य रचलां – 'विस्थापनाची कथा'. विद्वान आनी विचारवंत तशेंच भोवभाशा लेखक आसून चार भाशांनी जावन हांगेलीं पन्नासा वयर पुस्तकां उजवाडा आयल्यांत.

पी.एस. अनंतनारायणन

(१९३६-२०२०)

सान चेरडुवांक आनी सादारण लोकांक कोंकणी भाषेचो परिचय मेळोवंचे खातीर हांणी भाषा शिक्षिका आनी सरळ गीतांचीं पुस्तकां उजवाडायलीं. दूरा दूरा गांवांनी पर्यंत तीं वितरण करून नवे पीढीक कोंकणीचे दिकार आकर्षित केलीं. हांगेले 'भाषा शिक्षिका २०१२' ह्या पुस्तकाक श्री श्री वामनाश्रम स्वामिजींचो आशिर्वाद मेळ्ळा. केरळ सरकाराच्या सहकारी विभागांत सहरजिस्ट्रार पदावेल्यान सेवानिवृत्त जाले नंतर हे १९९३ साकून १९९९ मेरेन स वर्षांक केरळ वैश्य समाजाचे अध्यक्ष जावन आशिल्ले.

केरळ कोंकणी अकादमीन घडयलेलीं कांय कार्यक्रमां

* पंडरीनाथ भुवनेंद्र कोंकणी गद्यसाहित्य मत्सरां, कोंकणी गीत गायन मत्सरां, कोंकणी क्विज, पुरस्कार समर्पण कार्यक्रम, आदी खूब कार्यक्रमां घडोवन हाडलीं. * अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या सहयोगान कोचींत पयलेच पावटी 'कोंकणी मनोमिलन' कार्यावळ घडयली. * अकादमीचे अध्यक्ष श्री पी. एन. कृष्णन आतां अ.भा.कों. परिशदेचे उपाध्यक्ष आशिल्ल्यान अ.भा.कों.साहित्य सम्मेळन अंदू वर्षा एर्नाकुळमांत घडोवपाचे खातीर आवश्यक सहयोग सहकार दिलो.

कोंकणी साहित्य अकादमी (केरळ) हांणी घडयलेलीं कांय कार्यक्रमां

* दर म्हयन्यांत 'कोंकणी एकमेळ' कार्यक्रमां घडोवन हाडलीं. हांतूं पुस्तकांचो परिचय, तांचेर चर्चा, कविता वाचन, बरोवप्यांचो आनी प्रवर्तकांचो सन्मान, आदीं आसता. * कोंकणी मान्यता दिसाक अनुबंद जावन भव्य कार्यक्रम घडोवन हाडलो. हांतूं कोचीचे मेयर मुख्य अतिथी आशिल्ले आनी तांचे हस्तुकीं अकादमीन उजवाड हाडिल्ल्या बालसाहित्य पुस्तकाचें लोकार्पण जालें. * वेगवेगळ्या वाठारांनी 'कोंकणी साक्षरता' कार्यक्रमां घडोवन हाडलीं.

कोंकणी भाषा प्रचार सभा, कोची आनी कोंकणी केंद्र गोश्रीपूर हांणी संयुक्तपणान घडयलेलीं कांय कार्यक्रमां

* दर म्हयन्यांत 'कोंकणी कविसंगम' कार्यक्रमां घडोवन हाडलीं. * कोचींत 'कोंकणी सप्ताह' कार्यक्रमां घडोवन हाडलीं. * साहित्य मत्सरां चलोवन वेगवेगळे पुरस्कार दिवपाक भव्य समारोह घडोवन हाडले. * 'एन.एम.सरस्वती बाय साहित्य पुरस्कार' आनी 'सुशीला त्रिविक्रम भट स्मरणार्थ पुरस्कार' दर वर्सा प्रदान करताय.

अनुग्रहा चरिटबिळ ट्रस्ट, एर्नाकुळम हांणी घडयलेलीं कांय कार्यक्रमां

* सतराव्या शतकांत 'होर्तूस मलबारिकूस' ग्रंथावलीक कोचीच्या कोंकणी वैदांनी दिलेल्या इतिहासीक कोंकणी साक्ष्यपत्राची ३५० वर्साची जयंती मनोवपाक तरातराचे कार्यक्रम घडयले. ज्ञानपीठ पुरस्कार विजेता गोंयचे विख्यात लेखक श्री दामोदर मावजो मुख्य अतिथी जावन कोचींत प्रथम कार्यक्रम घडयलें. * आनीक एक कार्यक्रमांत 'होर्तूस क्विज' आनी कोंकणी नाटक 'साक्ष्यपत्र' सादर जालें. * गोंयचे मानादीक मुख्यमंत्री श्री प्रमोद सावंत हांकां स्वागत करून एक भव्य कार्यावळ कोचींत घडोवन हाडली.

पी.जी. कामत फौंडेशन, एर्नाकुळम हांणी घडयलेलीं कांय कार्यक्रमां

* स्वर्गीय पी. जी. कामत (१९२६-२००९) हांचे जन्मशताब्दीक अनुबंध जावन एर्नाकुळम शारांत सांस्कृतिक कार्यावळ घडोवन हाडली. * केंद्रीय साहित्य अकादेमीच्या सहयोगान 'गोड्डे रामायण' लोककाव्याविशीं चर्चासत्र घडयलें. * केंद्रीय साहित्य अकादेमीच्या सहयोगान केरळचे राज्यपाल मानादीक राजेन्द्र विश्वनाथ आर्लेकार हांगेलें 'लोक आनी पुस्तकां' हाचे विशींचें उलोवप घडयलें.

प्रबोधा पब्लिकेशन्स, एर्नाकुळम हांचें पुस्तक प्रकाशन

* एन. बालकृष्ण मल्ल्या हांणी कोंकणींतल्यान अणकार केलोलो मलयाळम लेखसंग्रह 'हृदयकेट्ट अषिंजप्पोळ' हाचें प्रकाशन केरळचे राज्यपाल मानादीक राजेन्द्र विश्वनाथ आर्लेकार हांचे हस्तुकीं जालें.

केरळ कोंकणी अकादमीची नवी कार्यकारिणी समिती

* २०२५ नवंबर ९ तरिकेक कोचींत भरलेले केरळ कोंकणी अकादमीचे सामान्य सभेन अकादमीची नवी कार्यकारिणी समिती वेंचली. पी.एन.कृष्णन (अध्यक्ष) प्रोफ. के.एन.आर. भट (उपाध्यक्ष) के. विश्वनाथन (सरकार्यदर्शी) संजय राजगोपाल (कार्यदर्शी) प्रोफ. जी. मोहन रावु (कोशाधिकारी) आनी टी.आर. सदानंद भट, के. विजयन आदी इतर वांगडी म्हणून वेंचून आयल्याय.

इतर कला / साहित्य / सांस्कृतिक खबरो (केरळ)

* पळ्ळुरुत्ती जी.एस.एस.एस. महिळा विभागान डी.डी. कलामंदिरांतु अंदूं मे म्हयन्यांत **'पांडुरंग महिमा'** म्हूण एक अप्रूप दृश्याविष्कार अवतरण केलो. वेदीचेर नाटक अवतरण करतनाच, वेदीचे फाटले भितियेर एल.इ.डी. वॉळ दवरून ताचेर सगळो वेळ त्या त्या रंगाक अनुयोज्य जालेलीं जिवाळ चलनचित्रां प्रदर्शित करून, हें संगीतनृत्यमय भक्तिनाटक तांणी अत्यंत आकर्षक केलें. केरळच्या कोंकणी नाटक रंगावेलो हो एक मैलाफातर म्हूण सांगूयात. खूब वर्षां मुरथम हांणी हेच वेदीर 'श्रीकृष्णलीला' म्हूण ह्याच रूपाचो एक दृश्याविष्कार प्रस्तुत केलोलो.

* पंचाब्जपूर कलाकेंद्राच्या आभिमुख्यार शंबर भुरग्यांनी रंगवेदीचेर वांटो घेतल्लें **'वेंकटकल्याण'** हें अप्रूप संगीत नृत्य नाटक अंदू आक्टोबर म्हयन्यांत एर्नाकुळम टी.डी. देवळांत अवतरण केलें. हाची रचना आनी दिग्दर्शन श्रीमती श्रीविद्या मंगेश पै हांणी केलां. नाटक पळोवपाक प्रेक्षकांची व्हडली गर्दी आशिल्ली.

कोंकणी साहित्य पुरस्कार (केरळचे बरोवपी)

***** आर.एस. भास्कर हांगेल्या 'चैत्रकविता' कवितासंग्रहाक २०२३ वर्षाचो 'विश्व कोंकणी कविता कृती पुरस्कार' (१००००० रुपया आनी फलक) प्राप्त जालो.

***** आर.एस. भास्कर हांकां गोवा कोंकणी अकादमीचो २०२४ वर्षाचो 'माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाषा सेवा पुरस्कार' (५०००० रुपया आनी प्रशस्ती फलक).

***** अञ्जलि किणि हांगेल्या 'मणियां सोरु' बालकविता संग्रहाक गोवा कोंकणी अकादमीचो २०२४ वर्षाचो साहित्य पुरस्कार (२५००० रुपया आनी प्रशस्ती फलक).

केरळ कोंकणी अकादमीचो 'पंडरीनाथ भुवनेंद्र गद्य साहित्य पुरस्कार'

२०२१ - श्रीकांत मट्टांचेरी - सुमंगली भव (नाटक)

२०२२ - पी.एस. वसन्तकुमारी - एकि सनीचि तीर्थयात्रा (प्रवासवर्णन)

२०२३ - सरस्वती एस. प्रभू - जीवनमुक्ती (कथा)

२०२४ - चन्द्रमणी के.एन. - तें तसी नाका बापूय प्लीज (कथा)

कोंकणी भाषा प्रचार सभेचो 'एन.एम.सरस्वती बाय साहित्य पुरस्कार'

२०२० - अञ्जलि किणि (काव्याञ्जलि - कविता संग्रह)

२०२१ - विलासिनी नारायण नायक
(जीब न्हय जीवन उलयता - कविता संग्रह)

२०२२ - माया अनिल खरंगटे (घडटां घडयतां - कादंबरी)

२०२३ - संध्या वी. प्रभू (कणियांचे खोट्टूल - कथासंग्रह)

കൊങ്കണി ഭാഷാ പഠന സഹായി / കൊങ്കണി ഭാഷാ പരിചയം
മലയാളം കൊങ്കണി ക്രിയാപദാവലി
गुरपाळें (सचित्र बालगीत संग्रह) / **मणियां सोरु** (सचित्र बालगीत संग्रह)
रघुरामायण (स्वर्गीय जी. कमलम्माळ विरचित कोंकणी महाकाव्य)
Life and Teachings of Shrimad Sudhindra Tirtha Swamiji
Merchant of Bombay (Novel) / ബോംബെയിലെ വ്യാപാരി (നോവൽ)
തുടങ്ങിയ മലയാളം / കൊങ്കണി / ഇംഗ്ലീഷ് പുസ്തകങ്ങൾ
ലഭിക്കുവാൻ സന്ദർശിക്കുക www.navathishop.com
ഫോൺ : 77368 70595

सुशीला त्रिविक्रम भट स्मरणार्थ पुरस्कार २०२२

साहित्यकृती - आर.एस. भास्कर (चैत्रकविता)

भाषा सेवा - नम्रता पी. किणी

कथा - पी.एस. वसंतकुमारी कविता - विजय कुमार एन. पै

सुशीला त्रिविक्रम भट स्मरणार्थ पुरस्कार २०२३

साहित्यकृती - एन. बालकृष्ण मल्ल्या (आत्मगत)

भाषा सेवा - एस. रामकृष्ण किणी

कथा - डो. अनिता डी. किणी कविता - विलासिनी नारायण नायक

सुशीला त्रिविक्रम भट स्मरणार्थ पुरस्कार २०२४

साहित्यकृती - विलासिनी नारायण नायक (जीब न्हय जीवन उलयता)

भाषा सेवा - एल. कृष्ण भट

कथा - के.एन.आर. भट कविता - एस. रामकृष्ण किणी

विशेष सेवा - आर. सदानन्दन मास्टर / माया पी.एस.

सुशीला त्रिविक्रम भट स्मरणार्थ पुरस्कार २०२५

साहित्यकृती - श्रीकला सुखादिया कम्मत (गुरपाळें)

भाषा सेवा - डॉ.पी.आर. हरीन्द्र शर्मा

कथा - सरस्वती एस. प्रभू कविता - उमेश टी. भट

विशेष सेवा - ए. नारायण शेणै

'स्पन्दन' म्हयनाळ्याची वर्सुकी वर्गणी वा संभावना **केरळ कोंकणी अकादमी**च्या बैंक खात्यांत भरून ताची माहिती तुमचो टपाल पत्तो आनी फोन नंबर सहित कृपया **Email / WhatsApp** द्वारा आमकां पांवयाय.

Bank A/c Name: Kerala Konkani Academy
Bank A/c No: 43072010010882
Canara Bank, Cherlai, Kochi Branch
IFS Code: CNRB0014307
Email: spandankochi@gmail.com
WhatsApp: 9446369771

Please Scan this code to Pay

कांय नवीं प्रकाशनां (केरळ)

***** श्रीकला सुखादिया कम्मत हांगेलो बालकविता संग्रह 'गुरपाळें' (२०२५) प्रकाशित जालो. रंगयाळ्या चित्रांनी सजयलेली ही बालसाहित्य कृती राज्य सरकारा खाला आशिल्ले 'कोंकणी साहित्य अकदमी - केरळ' हे संस्थेन उजवाडायल्या. २०२५ वर्षाच्या कोंकणी मान्यता दिसाच्या कार्यवळीचे वेदीर कोची मेयराचे हस्तुकीं हाचें लोकार्पण जालें. मोल २००/-

***** एन. बालकृष्ण मल्ल्या हांणी कोंकणींतल्यान अणकार केलोलो मलयाळम लेखसंग्रह 'हृदयकेट्ट अषिंजप्पोळ' (२०२५) प्रकाशित जालो. मूळ लेखक (काळीज उसवलां) उदय नरसिंह म्हांबरो. प्रबोधा पब्लिकेशन्स हांणी उजवाडायला. मोल २००/-

***** शरतचंद्र शेणै हांगेली मलयाळम कोंकणी भाषासहायी 'कोंकणीभाषापरिचयम' (२०२५) प्रकाशित जाली. लेखकान ही स्वताच उजवाडायल्या. मोल ८०/-

***** डो. प्रतिमा आशर हांणी कोंकणींतल्यान अणकार केलोलो इंग्लीष कथासंग्रह 'द बीयिंग विथिन' (२०२५) प्रकाशित जालो. मूळ लेखक (अंतर आयामी) गोकुळदास प्रभू. साहित्य अकादेमी, नवी दिल्ली हे संस्थेन हो उजवाडायला. मोल १८०/-



'सुशीला त्रिविक्रम भट स्मरणार्थ कविता पुरस्कार २०२२' मेळ्ळेली कविता

पुनः कित्याक वाचिता!

- विजय कुमार एन. पै -

हो समयु आतां किति की सांगता
पुनः कित्याक तूं सोधिता
सोणु गेलेली ती कथा
पुनः कित्याक तूं वाचिता!

प्रतीक्षेरी निर्भर आसिलीं तीं दिनरात्रं
प्रभातेय अस्तमनेय जालीं चंद चित्रं
मंचूव सी पोंवतालीं पावसांतु तीं पत्रं
हृदयरक्तान बरयलिलीं मोगाचीं मत्रं

एकेक जीवांकयि दिल्या एकि काणी
कोणेय जाता रायु आनीक कोणेय राणी
एक अशीय सगट सांगतालीं वाणी
दीव्यारी घुंवतालो खंय हो प्राणि

जीवन व्यर्थ रे नष्ट चियल्यारी
श्रेष्ट करी तूं आनीक अशिल्यारी
सगळ लिखित हें चिधाताले पुस्तकारी
विश्वासु घट्टी धरी तूं देवाचेरी

देवा तुजी दया

- आर. एस. भास्कर

देवा तुजी दया
दर्येच्या पाळा वरी
मळबा मेरेन पावता
माथ्यार म्हज्या शिंवरता

देवा तुजें प्रेम
फुलांचे सुगंधा वरी
मग मग मारता
काळज्यांत म्हज्या भरता

देवा तुजी माया
झाडावेली वाली
वेडो म्हजेर घालता
तुजें कडेन बांदता

(बालकविता)

मंतारायी

- श्रीकला सुखादिया कम्मत -

केरींतु आसेकी मंतारायी
दांतु नातिल्ली एकी मंतारायी
बडी घेवनु चोवकुची मंतारायी
फटचान खातेली तीची आयी
मोगु तो चेरडुवांक कोरची आयी
पुराणेय कथाय सांगतेली आयी
गोडसें कोरनु बालांक दिवची आयी
केदणाय हासूची चांगी आयी

इंग्लीष - कोंकणी - इंग्लीष उतरावळ

इंग्लीष कोंकणी आनी कोंकणी इंग्लीष द्विभाषा उतरावळेचें खूब लोकप्रिय आनी उपकारप्रद एक वेबसैट आसा -

www.konkanivocabulary.in

हांगा दिलेलें क्यू आर कोड स्कान केल्यार वेबसैट मेळता.

लोकप्रिय कोंकणी यूट्यूब चनलां

कोंकणी बालगीत आनी लोकगीत हांचीं मनोरंजक गायनां, आकर्षक दृश्यां सयत अपलोड केलेलीं दोनि यूट्यूब चनलां आतां लोकप्रिय जाल्यांय - (1) Aamchi Konkani (2) Sreekala Sukhadia.

भुरग्यांक आवयभाषेची गोडसाणि कळोवंचाक हीं चनलां पळोवंचीं. हांगा दिलेलीं क्यू आर कोड स्कान केल्यार हीं मेळताय.

FORM IV (See Rule 6)

1.	Place of Publication	: Kochi
2.	Periodicity of Publication	: Monthly
3.	Printer's Name	: P. N. Krishnan
4.	Whether Citizen of India	: Yes
5.	Address	: Kerala Konkani Academy (R) 18 / 535 A, GOKUL Ayyappa Sevasangham Road, PALLURUTHY, Kochi - 682 006
6.	Publisher's Name	: P. N. Krishnan
7.	Editor's Name	: Saratchandra Shenoi
8.	Name and Address of individuals who own the newspaper and partners or share holders holding more than one percent of the total capital.	: Kerala Konkani Academy (R) 18 / 535 A, GOKUL Ayyappa Sevasangham Road, PALLURUTHY, Kochi - 682 006

I, P. N. Krishnan, hereby declare that the particulars given above are true to the best of my knowledge and belief.

10.11.2025 Sd/-

'अनन्तु' - एक समीक्षा

- अंजली किणी

'अनन्तु' - कोचीचे कविरत्न सर्गेस्त के. अनन्त भट हान्नी रचिल्ली तांची आत्मकथा. कोचीचो श्री के. अनन्त भट कोंकणी साहित्याचे क्षेत्राक तन, मन आनी तांचे नैसर्गिक कलेचें धन दिवनु पोषण केल्लोलो बरोवपी. संस्कृत, हिंदी आनी कोंकणींत तांचें पाण्डित्य असामान्य. भक्ती आनी भावनेक एक समान प्राधान्य दीवनु अनेक कविता आनी गीतांचे हान्नी रचना केल्ली आसा. संत तुळसीदास विरचित 'रामचरितमानस' कोंकणीन अणकार करून केंद्र साहित्य अकादमीचो पुरस्कार हांका २००६ त फाव जाला.

'चेरडाक कशी आवसु तशीचि कवितेक प्रासु' म्हणतल्ले तांचे सग कवनांतूय प्रासु आसा. अक्षरांचे ताळ - मेळ आसा. जीवु भरून आसा. तांची आत्मकथा 'अनन्तु' अशीचि प्रासयुक्त जावून पद्य रूपानचि सोबीत. अशी काव्य रूपान रचिल्ली वेगळी एक आत्मकथा धरून काडूक बहु कष्ट.

भगवद्गीतेचे नित्य उपासक आसिल्ले श्री. अनन्त भटान तांची जीवनाची काणीयि गीतेचे वरी सातशें श्लोकान वाचप्याले मुखार सरळ रूपान दवरल्या. हे आत्मचरित्रांतु तांचो जल्म केदणा जालो म्हणलेलें विवरण तान्नी अशी सांगताय -

'सेप्टंबर मासु अठावीस तारीक सात घंटे मिनटो बारा
एकुणीसशें एकुणचाळीसावे वर्सा सकाळीं जल्मलों गुरुवारा'

'तपस्विनी' म्हणलेले कोंकणी चलचित्रांत एक सान पात्राचो अभिनयु केलेल्या पासून अशी सांगताय -

'सान पात्र तरी चलचित्रा नटु जावचांतु संतोशु जालो
मनांतु कोंकणी सेवा केलोलो भारी अभिमानु घालो'

अशी जन्मु, बाल्य, शिक्वण, यौवन, उपजीवन, परिणय, साहित्य सेवा, स्थान-मान-सन्मान, मित्र मण्डल, यात्रा, अणभवाचीं उत्तरां अशी वेग वेगळे भागांतु जावनु मोवाळ भाषेन लघु रूपान तांचे जीवनाचीं पान्नां विस्कळायल्यांय.

अश्शीं पान्नांचे हे पुस्तकांतल्यान सुमार अश्शीं वरसांचे अणभव ल्हान जावनु लाळित्यान बरयिल्याय. केरळचे कोंकणी साहित्याक व्हड एक योगदान तां 'अनन्तु'. कवीले स्वभावाचे वरी हे पुस्तकांतूय मुग्धता भरून पडल्या.

कांय नवीं प्रकाशनां (केरळ)

* शरतचंद्र शेणै हांणी संकलन आनी संपादन केलोलो प्रवासवर्णनांचो संग्रह 'उकत्या मळबाखाला..' (२०२४) प्रकाशित जालो. एर्नाकुळमच्या 'अनुग्रहा चरिटबल ट्रस्ट' हांगा घडयलेल्या बरोवप्यांच्या मित्रसंगमांत ट्रस्टाचे अध्यक्ष आर. भास्कर शेणै हांणी पुस्तकाची पयली प्रति एन. मुरळीधर पै हांकां दिली. बारा लेखकांच्या प्रवासकथनांचो हो एक अप्रूप संग्रह जावन आसा. मोल २००/-

* आर. रामानन्द प्रभु हांगेलो कविता संग्रह 'कोंकणी कविता भरो' (२०२४) प्रकाशित जालो. खूब चित्रांनी सजयलोलो हो संग्रह केरळ कोंकणी अकादमी, कोची हांणी प्रकाशन केला. मोल १२०/-

* एन. बालकृष्ण मल्ल्यालो नवो कविता संग्रह 'सत्याचीं किरणां' (२०२३) प्रकाशित जालो. गोंयच्या शणै प्रकाशन हांणी प्रकाशन केलेल्या संग्रहाक शरतचंद्र शेणै हांची प्रस्तावना आसा. मोल २००/-

* अञ्जलि किणि हांगेलो बालकविता संग्रह 'मणियां सोरु' (२०२३) प्रकाशित जालो. रंगयाळ्या चित्रांनी सजयलेली ही बालसाहित्य कृती एर्नाकुळमच्या पै पब्लिशर्स हांणी उजवाडायल्या. मोल २००/-

* कोंकणी केंद्र, गोश्रीपूर हे संस्थेन संकलन आनी संपादन केलोलो बारा बरोवप्यांच्यो कथा संग्रह 'कणियां पेट्टारो' (२०२३) तांणीच प्रकाशन केला. मोल ६०/-

* शरतचंद्र शेणै हांणी अणकार केलोलो लेख संग्रह 'गोयांत जाल्लो धर्मांतर' (२०२३) प्रकाशित जालो. मूळ लेखक स्वर्गीय रंगा हरी. संजना पब्लिकेशन्स, गोंय हे संस्थेन हो उजवाडायला. मोल २५०/-

* आर.एस. भास्कर आनी एन.बालकृष्ण मल्ल्या हांणी संपादन केलोलो कविता संग्रह 'काव्य धनुष' (२०२२) प्रकाशित जालो. गोंयच्या शणै प्रकाशन हांणी प्रकाशन केलेल्या ह्या संग्रहांत केरळच्या ९५ कवींच्यो कविता आसाय. मोल २५०/-

* स्वर्गीय वत्सला आर. शेणै हांगेलो बालकथा संग्रह 'शांतिवनाच्यो काणियो' (२०२२) प्रकाशित जालो. खूब चित्रांनी सजयलोलो हो संग्रह शेणै प्रकाशन, पळ्ळुरुत्ती हांणी उजवाडायला. मोल १००/-

* 'सुशीला त्रिविक्रम भट स्मरणार्थ कविता पुरस्कार २०२४' मेळ्ळेली कविता *

भोवंडी

- **एस. रामकृष्ण किणी** (एळमक्करा)

लोकु भोंवाय, स्थलं चोयाय.
मनांतु सतोषु पांवाय.
सानप्रायेर आमी चेरडुवांक चोयलीं.
दोळे भोरनु आमकां चोयनाय की आतां तीं?
कामांतल्यान आमी एदे वर्षाफूडे निवृत्त जालीं.
कदलाचें मोल आतां आमकां कोळूक लागलें?
लोकु भोंवाय, स्थलं चोयाय.
मनांतु संतोषु पांवाय.
चेरडुप्रायेर आमकां ऊर्जा आसा
वेळु आसा दुडू मात्र ना.
काम कोरचे वेळार आमकां
दुडू आसा ऊर्जा आसा
वेळु मात्र ना.
आतां हांव जाण्टो जाला
वेळु आसा दुडू आसा
ऊर्जा उरली ना.
हीं तीनीय पदार्थ एकाची वेळार आसप हें
खूब दुर्मिळ.
लोकु भोंवाय, स्थलं चोयाय.
मनांतु संतोषु पांवाय.
यात्रा मनषाक पूर्ण करता
अचूक करता.
मन तरणाटे ताजें करता
ताचें ज्ञान वाडेयता.
लोक-संस्कारु कितें म्हुणु
आमकां शिकयता.
प्रवासाक लोकाची भाषेक खाणाक
हवामानाक
अनुकूलता एता.
लोकु भोंवाय, स्थलं चोयाय.
मनांतु संतोषु पांवाय.
विविधताची कदर करता सहनशक्ति
सुदारता.
लकचीकपण वाडेयता
सहिष्णुता विकसीत करता.
अज्ञात सुवार्तीं वळख करून दिता
संवाद कौशल्य वाडेयता.
नकारात्मक सकारात्मकांत
बदल जाता
अनुकूल जावूंक शकता.
लोकु भोंवाय, स्थलं चोयाय.
मनांतु संतोषु पांवाय.
मनीषु सांवसारीक नागरीक जाता.
लोकाची जीवन शैली अपनायता.
मनाचें क्षितीज रूंद करता.
ताका शारीरिक मानसीक भावनीक
अणभव मेळता.
लोकु भोंवाय, स्थलं चोयाय.
मनांतु संतोषु पांवाय.

मोगा रूकु सुक्कोलो

- आर. रामानन्द प्रभु, कोरम्बो

मोगु तुक्का करता करता
हांव म्हक्का विस्सोरता
वसंत शिशिर वत पावसु
एवनु वच्चप खबर नत्तीले बेस्सला

विश्व पुरा शून्य म्हाजे मन्नांतु
हांव अणि तू मात्र लोकांतु
म्हाजो मोगु तुक्का कळेयतणा
हांव जालो संपूर्ण अणि
तू जाली म्हाजी पूर्णता

हांवे काळीजां भित्तरि
मोगाची बी एकि ओयली
मोगु किरलेवनु झाड जालें
झाड वड्डूनु विस्तरलें
ताचे सावटा दिसां दीसु
वडले अमी परस्पर सवळी जावनु
वार्यान रुक्काचे पल्ले हल्लेताय
ताचो स्वरु आमकां पालवाचों गींतु
सेवणी जाली राखणदार अमुची

पूरा हें खबर तुक्का आसून
गेल्ली कित्या तू म्हाक्का सोडूनु
तुक्का जावनु हांवे
दिल्ले पूरा म्हजे जीणे
म्हक्का जावनु तूवे एक
उडगासा पृष्ट मात्र राखिले

पृष्ट म्हजा जीवु, मोगाचो रूकु
रब्बीला अंत पल्ले खंदे सुक्कूनु
खंद्यारि घूडु केल्लेलीं सेवणी
संत कन्नांतु निंवगिताय -
रुक्काक केन्ना अंकुर फुट्टताय?
नवे पल्ले, फूल अणि कळो येत्ता?

पापी फूल

- मोहन रावु जी.

काळे काळे पावसा मोड
वारान पावसा मोड उबून वोता
हांवय हालेता वारांतु
झाडय हालेता वारांतु

ती माका चोयता मोगान
ती माका तुंटेयता मोगान
ती माका माळता मोगान
चोयता हांव तिका मोगान

तो काडता माका भक्तीन
तो मांदीता माका भक्तीन
तो दिता माका देवाक भक्तीन
चंद दिस्सता देवु , भक्तीन

एक दीसु पुराय जाल्यारि
सोणु विंदिताय माका
माका ना पूरप आनी लास्सप
मेळसता हांव रेवांतु

*** इतिहासाचें एक पान ***

अम्मूलक्का शेणै (१८५१-१९०२)

- केरळची आद्यकाल कोंकणी कवी -

केरळच्या कोंकणी साहित्या विशीं परामर्श करतना आमचे जिबेर प्रथम येवंचें नांव आसा **अम्मूलक्का शेणै** हांगेलें. केवल तीस वर्सांचें प्रायेर तिणे मातृभाषेचे सेवेक प्रारंभ घालो. एकूणिसाव्या शतमानांत कोचीच्या सारस्वत समाजाचे दोग प्रसिद्ध नेता आशिल्ले - जनार्दन शेणै आनी तागेलो पूत हरी शेणै. अम्मूलक्का शेणै ते जनार्दन शेणैली धूव आनी हरी शेणैली भयणि. वरापुषा गांवांच्या पै कुटुंबांत ती लग्न जाली. १८८१ वर्सा जनार्दन शेणैल्या मुखेलपणार कोची वेंकटपती देवळाची नवी प्रतिष्ठा जाली. त्या महोत्सवाचे आनी तशीच १८८६ वर्साचे महोत्सवाचे उडगासाक तिणें रचिल्ले भक्तिगीत आजीय, तिगेले मर्णा उपरांत शंभरां वयर वर्सां दांटवुनूय जनांचे जिबेर खेळताय. तिगेलीं अनश्वर कीर्तनां केरळच्या कोंकणी साहित्यांतली उदयकिरणां जावनु आसाय.

(शरतचंद्र शेणैन संपादन केलेल्या 'नंदादीप' संग्रहाच्या आधारान तयार केलां.)

वेंकटाचलपति देवा

- सी. वी. प्रभाकरन -

तिरुपती वेंकटाचलपति
तो आमगेलो देवु
मंगलम मंगलम श्री वेंकटेश देवा
हांव तुजी सेवा करतां वेंकटेश देवा
माका तूं विसरना देवा श्री वेंकटेशा
कष्ट भोगून पुरो जालें वेंकटेश देवा
भक्तांक शरण दी तुगेले चरणांतु देवा

दुरितहरण तुगेलें स्मरण देवा
तूं केदना मेगे मनांतु आस्तेलो देवा
दीनजनबंधु कारुण्याचो सिंधु देवा
देवा, तूं आनंद दी माका
दोष दूर करका देवा
तुगेलें नाम केन्नाच मेगे मनांतु आसा
सर्वदुःख संहार करका श्री वेंकटेशा

केरळ कोंकणी अकादमीचो उत्कृष्ट गद्यकृतीक आशिल्लो २०२४ वर्साचो **'पंडरीनाथ भुवनेंद्र गद्य साहित्य पुरस्कार' श्रीमती चन्द्रमणी के.एन.** हांगेले 'तें तसी नाका बापूय प्लीज' शीर्षक कथेक मेळ्ळा. हार्दिक अभिनंदन आनी आशंसा.

स्वर्गीय अम्मूलक्का शेणै विरचित कीर्तन

लक्ष्मी वेंकटरमणा
चरण कमलानी शरणा
मिजवरी करी करुणा (लक्ष्मीरमणा -
मिजवरी करी करुणा
तुज विना आलामी शरणा
आमगेले सगटांलें संकट हरण करी
धारारी वेंकटरमणा
जय जय जगदीशा, गोश्रीपुराधिवासा
दया कृपेन करेशा, श्री लक्ष्मी वेंकटेशा
संतती संपत्ती पूर्ण
वेंकटपतीले कारुण्यान
जाण जाल्ले लक्ष्मीप्रतिष्ठे प्रमाण
जनार्दन शेणै स्वाम्याला गेलो
आरती काणीक कोरनु नमस्कार केलो
प्रतिष्ठे वर्तमान सांगू लागलो
स्वाम्या मनांत होडु संतोषु जालो
प्रतिष्ठेचें ऐतिकमान सर्व
सांगीलें स्वाम्यान
नारलु केळें वीडो तिनीशें सत्तावन
तिनीशें सत्तावन पडी ओरोव लेकान
रुप्याचे कलश आट
ताजे लेकान रुप्या ताट
भांगराचें चिपट, शंखू, घांट
घांटेर बेसलो गरूड भांगराचो थेट
प्रमाण जाण जावनु लक्ष्मी मूर्ती
कोरोवनु हाणु
भुवनेंद्र स्वाम्या दाकोवनु
जनार्दन शेणैन बेसयली कुडींत व्होरनु
लक्ष्मी घालूक केलें आभरण
पदक सरपळी सुदर्शन
सुदर्शन पूजन केलें पुरोहित भटान
सुदर्शन लक्ष्मी घालें जनार्दन शेणैन
सुदर्शन घालूक केलो उत्सवु
सत्रासी पडी कालयलो फोवु
फोवु काणु घेंवचाक आयलो जनपदु
फोवु वांटून दिंवचाक बापूल वास्तेवु
ईश्वर सप्तस्वर
फणकेर वाजिताय नागेश्वर
कल्याण कृष्ण वेंकटाचल स्वर
ताळार वाजिताय फणकेर नागेश्वर
जनार्दन शेणै हातांत दिलें मू ताट
अक्षत घालूक ब्राह्मण भट
अक्षत घाले तान्नी एकेक मूठ
जनार्दन शेणैक दिले आशिर्वाद थेट
अंबुजनयनांबू
पन्नगशयनाश्री
मंगळमहिमागिरी
वेंकटरमणहरी

अनन्तु

- पद्यरूपी आत्मकथा -
कवि : स्वर्गीय के. अनन्त भट
प्रकाशक : पी.जी. कामत फौंडेशन,
एर्नाकुळम - 682 017
(फोनः 9447730866)



एक विनंती

केरळची ही एकमात्र कोंकणी मासिका '**स्पन्दन**' चलोवनु व्होरचे खातीर कोंकणी भाषेचेर मोग आनी अभिमान आशिल्ले सर्वय जनांनी सर्वय तराचो सहाय, सहकार, संभावना, जायरात, आदी मनान दींवका म्हूण आमी विनंती करताय. तुमचो सहाय अमूल्य आसा आनी त्या सहायाक, फटिबलाक, आमी तुमकां हार्दिक धन्यवाद सांगताय.

- केरळ कोंकणी अकादमी (R) कोची -

Reg. No. KERKON/2012/45527
SPANDAN Konkani Monthly
Vol. No. 14   Issue No. 11
₹10/-   Total Pages: 20

Registered KL/EKM/732/2021-23
License No: KL/CR/EKM/WPP-7/2021-23

Date of Publication: 10.11.2025

Printed and published by P. N. Krishnan on behalf of Kerala Konkani Academy (R)
18/535-A, GOKUL, Ayyappa Sevasangham Road, Palluruthy, Kochi - 682 006
Printed at Viani Printings, Lisie Junction, North Kaloor, Ernakulam - 682 018
Editor: Saratchandra Shenoi   Email: spandankochi@gmail.com